Aakashvani Panaji National news

8.40 am 27th October 2025

Vande mataram 160

Pm asean

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी आशियाई फुडाऱ्यांनी संयुक्तपणान आसियान-भारत संबंदांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी व्यापक रणनिती भागीदारी घटमूट करपा खातीर उपक्रमांचेर चर्चा केली. प्रधानमंत्र्यानी आपल्या मार्गदर्शनात आशियाई एकचार, आशियाई केंद्रीयताय, आनी भारत-पॅसिफिक विशीं आशियाई उद्दिष्ठाची भारताचो तेंको दिल्ल्याचें सांगलें. आसियान कम्युनिटी व्हिजन 2045 आपणावपा खातीर तांणी आशियाईची तोखणाय केली.आसियान-भारत एफटीएचो सुरवातीचो नियाळ आमच्या लोकांच्या फायद्या खातीर आमच्या संबंदाची पुराय अर्थीक क्षमता उक्ती करूंक शकता आनी प्रादेशिक सहकार्याक आनीक घटमूट करूंक शकता हाचेर तांणी भर दिलो. संवसारीक शांतताय आनी सुरक्षे खातीर आतंकवाद हें गंभीर आव्हान आसा अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, आनी आतंकवादाच्या आड झुजपाक एकचाराचें म्हत्व सांगलें. प्रधानमंत्र्यानि आपल्या मार्गदर्शना वेळार आसियान-भारत व्यापक रणनिती भागीदारी (2026-2030) चालीक लावपा खातीर आशियाई-भारत कृती येवजण चालीक लावपाक विस्तारीत आदार जाहीर केलो. तशेंच सुरक्षीत दर्यावेल्या वातावरणा खातीर दुसरी आसियान-भारत संरक्षण मंत्र्यांची बसकेचो प्रस्ताव तांणी मांडलो. प्रधानमंत्र्यानि आशियाई वीज ग्रिड उपक्रमाक आदार दिवपा खातीर, नवीकरणीय उर्जेच्या मळार 400 वेवसायिकांक प्रशिक्षण दिवपाची घोशणा केली. शेजारांतल्या संकश्टाच्या वेळार भारत पयलो प्रतिसाद दिवपी म्हूण आपली भुमिका चालू दवरतलो, आनी मानवतावादी मजत आनी आपत्ती मदत हातूंत सहकार्य आनीक घटमूट करतले अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

वंदे मातरम

"वंदे मातरम" ह्या राश्ट्रीय गीताच्या १५०व्या वर्साच्या उत्सवा खातीर देशभरांत उत्सव जातले. काल आकाशवाणीचेर मन की बात मार्गदर्शनात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 7 नोव्हेंबराक राष्ट्रगीत 150व्या वर्सा प्रवेश करतलें अशें सांगलां. ‘वंदे मातरम’ 150 वर्सां आदीं रचिल्लें, आनी गुरूदेव रवींद्रनाथ टागोरान पयलेच खेपे 1896 वर्सा गायिल्लें.‘वंदे मातरम’ चें 150 वें वर्स याद उरपा सारकें करपाक लोकांक आवाहन करून प्रधानमंत्र्यांनी , फुडल्या दिसांनी देशांत ‘वंदे मातरम’ संबंदीत जायत्यो कार्यावळी घडोवन हाडटले अशे सांगलें .वंदे मातरम हो बंकिमचंद्र चॅटर्जी हाणें रचलो. ताचे आनंदमठ हे कादंबरींत उजवाडाक आयिल्लो. वंदे मातरम हें पुस्तक गुरूदेव रवींद्रनाथ टागोर हाणें १८९६ वर्सा कलकत्त्यांत भारतीय नॅशनल काँग्रेसीच्या वर्सुकी अधिवेशनांत वाचलें. शेंकड्यांनी वर्सां गुलामगिरींतल्यान दुबळो जाल्ल्या भारतांत तातूंतल्यान नवी जीण आयली. रोखडेंच राजकीय वावुरपी आनी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यां मदीं तें मोर्चा गीत म्हणून लोकप्रिय जालें. ह्या गीताचेर तशेंच आनंदमथ ह्या गीताचेर ब्रिटीश राजवटींत बंदखणीची धमकी दिवन बंदी घाली. 24 जानेवारी 1950 दिसा आदलो राश्ट्रपती डॉ राजेंद्र प्रसाद हाणें संविधान सभेंत वंदे मातरमाक समान दर्जो दिवचो पडटलो अशी घोषणा केली.

सरदार वल्लभभाई पटेलाची जयंती 31 ऑक्टोबराक मनयतले.दर वर्सा गुजरातांतल्या एकतानगरांतल्या ‘एकता पुतळ्या’ लागसार ह्या निमतान खाशेले सुवाळे घडोवन हाडटात अशें मोदी हांणी सांगलें. सरदार पटेलाचो 150वो जल्मदीस हो पुराय देशा खातीर एक सामको खाशेलो प्रसंग अशें मोदी हांणी भर दिलो.

सरदार पटेल हो आर्विल्ल्या काळांतलो एक व्हड नायक आनी ताच्या उंचल्या व्यक्तीमत्वांत जायते गूण आस्पावतात अशें तांणी सांगलें.

Vp 138

काल सेशेल्सचो नवे  अध्यक्ष पॅट्रिक हर्मिनीच्या सोपूत घेवपाच्या सुवाळ्याक उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हाजीर आशिल्ले. दोन दिसांच्या सेशेल्स भेटीचेर आशिल्ले राधाकृशन हांणी मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री नवीनचंद्र रामगूलम हांकांय सेशेल्सांत मेळ्ळे. ह्या बसकेंत तांणी दोनूय देशां मदल्या वांटून घेतिल्ल्या इतिहासांत आनी संस्कृतायेंत रुजल्ल्या घटमूट आनी टिकपी बंधनांचेर विचार केलो. भारत-मॉरिशस द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाचे मार्गय चर्चा केली.उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी सेशेल्सांतल्या भारतीय लोकांक  वांगड्यांकय मार्गदर्शन  केलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोनाचेरूय तांणी भर दिलो. मुक्त, उक्तो आनी सुरक्षीत हिंदु म्हासागर सुनिश्चीत करपा खातीर भारताची वांटून घेतिल्ली वचनबद्धताय हो उपक्रम दाखयता अशें तांणी सांगलें. ताणें सेशेल्सच्या लोकांक राष्ट्राचो खर आदार दिल्ल्याचेर भर दिलो आनी दोनूय राश्ट्रां मदल्या टिकपी भागीदारीची परतून पुष्टी केली.

Amit shah  190

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज मुंबयंत इंडिया मॅरिटाइम वीक IMW2025 साचें उक्तावण करतले. बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयान इंडियन पोर्ट्स असोसिएशनाच्या भागीदारींत आयोजीत केल्ल्या पांच दिसांच्या कार्यावळींत शाश्वत दर्यावेली वाड, वेपार विस्तार, आनी निळी अर्थवेवस्थेची उदरगत करपा खातीर भारताची मोख  मांडटली.ह्या कार्यावळींत दर्यावेल्या उद्देगांतले फुडारी, धोरण निर्माते, गुंतवणूकदार, नवनिर्माण करपी, आनी भारत आनी परदेशांतले भागधारक वांटो घेतले. भारत दर्यावेल्या सप्तकांत 2025 वर्सा प्रदर्शनां, पॅनल  चर्चा, आनी परस्पर संवादात्मक सत्रां आसतलीं, जातूंत बंदरां, जहाज येरादारी, रसद, आनी दर्यावेल्या तंत्रज्ञानांतल्या संदांचेर भर दितले. जागतीक दर्यावेल्या केंद्र म्हूण भारताची सुवात घटमूट करप आनी पुराय क्षेत्रांत सहकार्य, नवनिर्माण, आनी धोरण संवादाक चालना दिवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. घरमंत्री अमित शाह, हाचे वांगडा महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, गोंयचे मुख्यमंत्री dr प्रमोद सावंत आनी ओडिशाचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी हांचे वांगडा आसतले. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग राज्यमंत्री शांतनु ठाकुर आयज IMW2025 सर्तींत वांटो घेवपाचे आसात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी बिरेस्तारा खासा पूर्ण अधिवेशनांत उलोवपाचे आसात. भारत दर्यावेल्या सप्तकाच्या कार्यावळी उपरांत केंद्रीय मंत्री अमित शाह मुंबयच्या माझागोन गोदींत अत्याधुनीक दर्यांत नुस्तेंमारी जहाजां वांटून दितले. ह्या वेळार महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आनी केंद्रीय राज्यमंत्री  मुरलीधर मोहोल हाजीर आसतले.

Piyush goyal  156

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयल आयज दोन दिसांच्या भेटीचेर बेल्जियमांतल्या ब्रुसेल्साक भेट दिवन युरोपीय संघाचे कार्यकारी उपाध्यक्ष आनी वेपारा खातीर युरोपीय आयुक्त मारोस सेफकोविच हांचे कडेन उंचेल्या पांवड्यावेली चर्चा करतले. भारत-ईयू मुक्त वेपार करार चालू आशिल्ल्या वाटाघाटींतल्या म्हत्वाच्या पांवड्यार ही भेट जाल्या.  दोनूय वटांनी बेगीनांत बेगीन व्यापक, समतोल आनी परस्पर फायदेशीर वेपार करार करपाचे यत्न चड खर केल्यात . ह्या म्हयन्याचे सुरवेक जाल्ल्या

14व्या फेरयेंतल्या वाटाघाटींतल्यान निर्माण जाल्ले गतीचेर मंत्रीमंडळाच्या भेटीचो हेतू रणनिती दिका आनी राजकी चालना दिवपाचो आसा. प्रस्तावीत मुक्त वेपार करार च्या मुखेल वाठारांचो आस्पाव करपाची अपेक्षा आसा, तातूंत बाजारांत प्रवेश, बिगर दरवाड उपाय, आनी नियामक सहकार्य हांचो आस्पाव आसा.

Solar- 195

आंतरराष्ट्रीय सौर युती विधानसभेचें आठवें अधिवेशन आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमांत सुरू जातलें. 4 दिसांच्या ह्या कार्यावळींत 124 देश वांटो घेतले आनी संवसारभरांतले 40 वयर मंत्री ह्या अधिवेशनाक हाजीर आसतले. ही कार्यावळ जागतीक समाजाक एकठांय हाडून सहकार्याक चालना दीतली आनी उजवाड आनी शाश्वत फुडारा खातीर सौर आपणावपाक गती दितली.

Imd 129

बंगालच्या आग्नेय खाडीचेर आनी ताचे लागसारच्या नैऋत्य बंगाल खाडीचेर खोल उणाव चड वाडून चक्रीवादळांत रुपांतरीत जाल्ल्याचें भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला . खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण मंगळारा सकाळीं मेरेन ही परिस्थिती आनीक खर जावन खर चक्रीवादळ वादळ जावपाक लागला . हवामानखात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 24 वरांत तो परतून वक्र जावन उदेंत मध्य अरबी दर्या वयल्यान ईशान्येक वचपाची शक्यताय आसा.

क्रिकेट - ६०

बायलांच्या आयसीसी संवसारीक कप क्रिकेट सर्तीत काल भारत आनी बांगलादेश पंगडामदलो निमणो साखळी फेरीयेतलो खेळ पावसाकलागून रद्द जालो. पावसाक लागून हो खेळ २७ षटकांचोच केलो. पयली फलंदाजी करताना बांगलादेश पंगडान ९ बाद ११९ धावंड्यो केल्ल्यो.